# आधारकार्डातली म्हायती अपडेट करपाक फुकट पोर्टल सुविधा

ता. 10 ऑक्टोबर 2023

आधार कार्डातली म्हायती अपडेट करपा खातीर UIDAI न नागरिकांखातीर 'my Aadhaar' ह्या पोर्टलावरवीं फुकट सेवा उपलब्ध केल्या. ही सेवा 14 डिसेंबर 2023 मेरेन फुकट आसतली. तशेंच UIDAI ची मान्यताय आशिल्ल्या खंयच्याय आधार केंद्रातल्यान 50/- रूपया शुल्क भरून आधार अपडेट सुविधा घेवपाक शकतात.

नागरिकांनी आधार नोंदणी केल्ल्या तारखे सावन 10 वर्सांनी वळखपत्र पुरावो, नामो आनी हेर म्हायतीच्या पुराव्या सयत एकदा तरी आधारकार्ड अपडेट करपाचो सल्लो दिला. आधार अपडेट दवरिल्ल्यान जीण सोपी जावपाक तशेंच सेवांचो लाव घेवपाक मदत जाता. तशेंच आधार कार्डातली म्हायती अचूक उरता.

त्या खातीर लोकांनी ह्या सेवेचो लाव घेवन आपल्या आधार कार्डातली म्हायती अपडेट करून घेवची.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/789

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.